२४.०९.२०२५        सकाळी ७.२५ वरां

आकाशवाणी पणजी केंद्र, प्रादेशिक खबरा विभाग

प्रादेशिक खबरो

गोंय राज्यात wellness tourism चे केंद्र जावपाची पुराय ताक आसा अशे मत गोंयचे राज्यपाल पुसापती अशोक गजपथी राजु हांणी व्यक्त केला.ते पेडण्या धारगळे अखिल भारतीय आयुर्वेद संस्थेत आयोजीत 10 व्या आर्युवेद दीसाच्या कार्यावळीत मुखेल सोयरे म्हण उलयताले.आर्युवेदाचे महत्व आता संसारभर ज्ञात आसा अशे ताणी म्हळे. Byte- governor

केंद्रीय आयुश राज्यमंत्री मंत्री प्रतापराव जाधव हांणी ह्यावेळार म्हणले की Ayush visa, heal in india अशा पद्धतीन भारताक आर्युवेदाच्या माध्यमातल्यान global welness केंद्र करपाच्या नदरेतल्यान सरकारान काम सुरू केला. Byte जाधव

जाल्यार गोंयचे मुखेलमंत्री दोतोर प्रमोद सावंत हांणी आर्युवेदाक आता अच्छे दीन आयल्यात अशे म्हणला. धारगळे अखिल भारतीय आयुर्वेद संस्थेच्या विस्तारीकरणा खातीर आनीक सुवात दीवपाच्या प्रस्तावाचेर गोंय सरकार विचार करतली अशे आस्वासन तांणी दीला. byte cmआयुष

गोंय विधानसभेच्या सभापती पदाचेर सांवड्डेचो आमदार गणेश गांवकार भाजपाचो उमेदवार म्हूण अधिकृतपणान आयज जाहीर केला. गणेश गांवकारान आयज मुखेलमंत्री प्रमोद सावंत, मंत्रीमंडळ, आनी जायते आमदार हांच्या हाजिरेंत उमेदवारी अर्ज दाखल केलो. मुखेल्मंत्री प्रमोद सावंत हाणी हे वेळार आपली प्रतिक्रिया दिली byte cm स्पीकर

गोंय सरकारान मुखेलमंत्री डॉ. प्रमोद सावंत हांच्या फुडारपणाखाला विवीध सुधारणा आनी लोकां खातीर सुरू केल्ल्या नाविन्यपूर्ण उपक्रमां खातीर वट्ट ७ 'स्कॉच पुरस्कार' मेळयल्यात. एका स्वतंत्र आनी परिणाम आदारीत मुल्यांकन

प्रक्रिये उपरांत हे पुरस्कार भेटयतात, हाका लागून गोंयच्या प्रशासकीय कामाक राष्ट्रीय पांवड्यार एक वळख मेळ्ळया.

पणजी वेधशाळेन नोंद केल्या प्रमाण पणजेत कमाल तापमान 31 डिग्री सेल्सिअस नोंद जाला तर किमान २५.४ डिग्री सेल्सिअस नोंद जाला. राज्यात फुडले काय दिस काय वाठरांनी हल्को ते मध्यम प्रमाणात पावस पडू येता

ही आसा एक कळोवणी - आकाशवाणी पणजी केंद्र कंत्राटी पद्धतीचेर खबरा वाचका खातीर अर्ज मागयता. पदवी धर कोकणी भाशेचे पुराय गिन्यान तशेच भाषांतर करपाचेर प्रभुत्व आसप गरजेचे. अधिक माहिती खातीर आकाशवाणीच्या खबरा विभागा कडे समपर्क साधचो.